गोंय लोक सेवा आयोग

ईडीसी हावस, ब्लॉक 'सी',1लो माळो, दादा वैद्य रोड, पणजी, गोंय – 403001.

संकेतथळःhttp://gpsc.goa.gov.in

## जायरात क्र. 1, वर्स 2020

सकयल दिल्ल्या पदां खातीर ऑनलायन अर्ज मागयतात. अर्ज भरपाची निमाणी तारीख 24.01.2020 आसा. ऑनलायन अर्ज भरचे पयलीं, उमेदवारांनी आयोगाच्या संकेतथळार उपलब्ध आशिल्ल्यो "सुचोवण्यो" जतनायेन वाचच्यो.

2. वेवसायीक महाविद्यालयां, भलायकी सेवा संचालनालयांत सल्लागार आनी वरिश्ठ तंत्रिकी विज्ञानीक पदां खातीर, कोंकणीचें गिन्यान आशिल्ले योग्य उमेदवार उपलब्ध नासल्यार, हेर तरेन योग्य आशिल्ल्या उमेदवारांची शिफारस गोंय लोक सेवा आयोग करूंक शकता आनी ही अट सदळ करप गरजेचें वा ताकतिकेचें अशें सरकाराचें मत आसल्यार, गोंय लोक सेवा आयोगाचे शिफारसीचेर सरकार ही अट सदळ करूंक शकता.

3. विहीत शिक्षणीक पात्रताय ही फकत किमान पात्रताय आसा आनी फकत ही पात्रताय आसली म्हूण उमेदवार मुलाखतीक आपोवपाक पात्र आसतलेच अशे ना. अर्जांची संख्या चड आसल्यार,"सुचोवण्यांनी" नमुद केल्ल्या प्रमाणें मुलाखतीक आपोवंक, आयोग उमेदवारांची लघू वळेरी तयार करतले.

## I. भलायकी सेवा संचालनालय

**1. वरिश्ठ मानसोपचारतज्ञ (Senior Psychiatrist) ....1 पद (दुसरे फावटी)**

**वेतन श्रेणी:** रू.15,600-39,100+6,600/- (पूर्व-सुदारीत) (सुदारीत वेतन मॅट्रिक्स टप्पो 1 1 प्रमाणें) **पिराय-** 45 वर्सां परस उणी.

**शिक्षणीक आनी हेर पात्रताय:-**

**आवश्यक:** (i) भारतीय वैजकी मंडळ कायदो, 1956 चे पयले वा दुसरे वळेरींत वा तिसरे वळेरीच्या भाग II (सनद पात्रताय सोडून) हातूंत आसपावीत केल्ल्या प्रमाणें मान्याताय प्राप्त वैजकी पात्रताय. तिसरे वळेरीच्या भाग II प्रमाणें शिक्षणीक पात्रताय आशिल्ल्यांनी भारतीय वैजकी मंडळ कायदो, 1956 च्या कलम 13 पोट-कलम (3) त दिल्ल्यो अटी पुराय करूंक जाय.

(ii) संबंदीत विशेशतायेंत पदव्युत्तर पदवी आसूंक जाय. ( iii) पदव्युत्तर पदवी मेळ्ळया उपरांत संबंदीत विशेशतायेंत जापसालदारकेच्या पदाचेर 3 वर्सां कामाचो अणभव आसूंक जाय. ( iv) कोंकणीचें गिन्यान आसूंक जाय.

**टीप: कोंकणीचें गिन्यान आशिल्ले योग्य उमेदवार उपलब्ध नासल्यार, ही आवश्यकता सदळ करूंक शकता.**

**ऐच्छिक –** मराठीचें गिन्यान.

**2. वैजकी अधिकारी (Medical Officer) ..... 9 पदां (हेर मागास वर्गीयां खातीर 4 पदां आरक्षीत)**

**वेतन श्रेणी:** रू.15,600-39,100+5,400/- (पूर्व-सुदारीत) (सुदारीत वेतन मॅट्रिक्स टप्पो 1 0 प्रमाणें) **पिराय-** 45 वर्सां परस उणी.

**शिक्षणीक आनी हेर पात्रताय:-**

**आवश्यक:** ( i) भारतीय वैजकी मंडळ कायदो, 1956 चे पयले वा दुसरे वळेरींत वा तिसरे वळेरीच्या भाग II (सनद पात्रताय सोडून) हातूंत आसपावीत केल्ल्या प्रमाणें मान्याताय प्राप्त वैजकी पात्रताय. तिसरे वळेरीच्या भाग II प्रमाणें शिक्षणीक पात्रताय आशिल्ल्यांनी भारतीय वैजकी मंडळ कायदो, 1956 च्या कलम 18 पोट-कलम (3) त दिल्ल्यो अटी पुराय करूंक जाय वा गोंय वैजकी विद्यालयाची (मॅडिको चिरूरजिया) पदवी आसूंक जाय. (ii) सक्तिची रोटेटींग इंटर्नशीप पुराय करूंक जाय. (iii) कोंकणीचें गिन्यान आसूंक जाय.

**ऐच्छिक –** (i) प्रकरणां प्रमाणें, सामान्य चिकित्सेंत प्रॅक्टीस केल्ल्याचो वा संबंदीत विशेशतायेंत अणभव (ii) मराठीचें गिन्यान.

**<u>II. नियोजन, सांख्यिकी आनी मोलावणी संचालनालय</u>**

3. **सांख्यिकीय अधिकारी (Statistical Officer) ....1 पद [दिव्यांगा खातीर आरक्षीत (एचएच/ ओएच)] (तिसरे फावटी)**

**वेतन श्रेणी**: रू. 9,300-34,800+4,600/- (पूर्व-सुदारीत) (सुदारीत वेतन मॅट्रिक्स टप्पो 7 प्रमाणें) **पिराय-** 45 वर्सां परस उणी.

**शिक्षणीक आनी हेर पात्रताय:-**

**आवश्यक:** (i) सांख्यिकी/प्रचालन संशोधना सयत विज्ञानांत पदव्युत्तर पदवी वा गणीत/अर्थशास्त्र/वाणिज्य (सांख्यिकी सयत)/वेवसाय प्रशासन/संगणकीय ऍप्लिकेशन सांख्यिकी सयत मान्यताय प्राप्त विद्यापिठांतल्यान वा तत्समांतल्यान पदव्युत्तर पदवी. ( ii) खंयचीय मान्यताय प्राप्त केंद्रीय वा राज्य सरकारी संस्था/संशोधन प्रकल्प/शिक्षणीक संस्था/ संशोधन संस्था हातूंतल्यान सांख्यिकी डेटाचें संग्रहण, संकलन, विश्लेशण आनी अर्थावणी करपाचो तीन वर्सां काम केल्ल्याचो अणभव. (iii) कोंकणीचें गिन्यान आसूंक जाय.

**ऐच्छिक –** मराठीचें गिन्यान.

## III. गोंय वास्तूशिल्पशास्त्र महाविद्यालय

**4. वास्तूशास्त्रांत सहाय्यक प्राध्यापक**(Assistant Professor in Architecture) .... 1 पद

**वेतन श्रेणी:** रू.15,600-39,100+6,000/- (पूर्व-सुदारीत) (सुदारीत वेतन मॅट्रिक्स टप्पो **10** प्रमाणें) **पिराय-** 45 वर्सां परस उणी.

**शिक्षणीक आनी हेर पात्रताय:-**

**आवश्यक:** ( i) वास्तुकलेंत पयले श्रेणींतल्यान बॅचलर वा मास्टर्स पदवी वा तत्सम, एक तर बॅचलर वा मास्टर्स पदवीचे समान. (ii) कोंकणीचें गिन्यान आसूंक जाय.

**ऐच्छिक –** मराठीचें गिन्यान.

**टीप: कोंकणीचें गिन्यान आशिल्ले योग्य उमेदवार उपलब्ध नासल्यार, योग्य आशिल्ल्या हेर उमेदवारांची शिफारस गोंय लोक सेवा आयोग करूंक शकता आनी ही अट सदळ करप गरजेचें वा ताकतिकेचें अशें सरकाराचें मत आसल्यार, गोंय लोक सेवा आयोगाचे शिफारशीचेर सरकार ही अट सदळ करूंक शकता.**

## IV.गोंय कला महाविद्यालय

5. **ललीत कला (चित्रकला) शाखेंत सहाय्यक प्राध्यापक (Assistant Professor in Fine Art) (Painting) ..... 1पद**

**वेतन श्रेणी:** रू.15,600-39,100+6,000/- (पूर्व-सुदारीत) (सुदारीत वेतन मॅट्रिक्स टप्पो 1 0 प्रमाणें) **पिराय-** 45 वर्सां परस उणी.

**शिक्षणीक आनी हेर पात्रताय:-**

**आवश्यक:** (i) ललित कलेंतल्या (फायन आर्ट) (चित्रकला आनी शिल्पकला) योग्य ते शाखेचे पयले श्रेणींतल्यान बॅचलर आनी मास्टर्स पदवी वा पयले श्रेणीचे तत्सम वा बॅचलर वा मास्टर्स पदवीचे समान. (ii) कोंकणीचें गिन्यान आसूंक जाय.

**टीप: वेवसायीक महाविद्यालयां, भलायकी सेवा संचालनालयांत सल्लागार आनी वरिश्ठ तंत्रिकी विज्ञानीक पदां खातीर, कोंकणीचें गिन्यान आशिल्ले योग्य उमेदवार उपलब्ध नासल्यार, योग्य आशिल्ल्या हेर उमेदवारांची शिफारस गोंय लोक सेवा आयोग करूंक शकता आनी ही अट सदळ करप गरजेचें वा ताकतिकेचें अशें सरकाराचें मत आसल्यार , गोंय लोक सेवा आयोगाचे शिफारशीचेर सरकार ही अट सदळ करूंक शकता.**

## V. बायलां आनी भुरगीं विकास संचालनालय

**6. बाल विकास प्रकल्प अधिकारी/समाज कल्याण अधिकारी ( Child Development Project Officer/Social Welfare Officer) ...... 3 पदां [अनुसुचीत जाती खातीर 1 पद आरक्षीत, हेर मागास वर्गीयां खातीर 1 पद आनी शारिरीक दिव्यांगा खातीर 1 पद आरक्षीत ] (दृश्टीहीन आनी कमी नदर)**

**वेतन श्रेणी:** रू. 9, 300-34,800+4,200/- (पूर्व-सुदारीत) (सुदारीत वेतन मॅट्रिक्स टप्पो 6 प्रमाणें) **पिराय-** 45 वर्सां परस उणी.

**शिक्षणीक आनी हेर पात्रताय:-**

**आवश्यक:** (i) समाज सेवा/समाज कल्याण/समाज कार्य/समाजशास्त्र/मानसशास्त्र/पुश्टीक अन्न विशय घेवन गृह विज्ञानांत (होम सायन्स) मास्टर्स पदवी वा मान्यताय प्राप्त विद्यापिठांतल्यान वा तत्समांतल्यान बाल विकास विशय शिकल्यात वा खंयचेय समाज कल्याण संस्थेंतल्यान समाज कार्यांत 2 वर्सांच्या अणभवा सयत समाज सेवा/समाज कल्याण/समाज कार्य/समाजशास्त्र/मानसशास्त्र/पुश्टीक अन्न विशय घेवन गृह विज्ञानांत (होम सायन्स) वा मान्यताय प्राप्त विद्यापिठांतल्यान वा तत्समांतल्यान बाल विकास विशयांत मास्टर्स पदवी. ( ii) कोंकणीचें गिन्यान आसूंक जाय.

**ऐच्छिक –** मराठीचें गिन्यान.

**टीप 1 : बरी पात्रताय आशिल्ले उमेदवार आसल्यार, गोंय लोकसेवा आयोग आपल्या स्वेच्छाधिकारान पात्रताय सदळ करतले.**

**टीप 2: अनुसुचीत जाती आनी अनुसुचीत जमातींतल्या उमेदवारांच्या अणभवा संबंदांतले पात्रताये विशीं, गोंय लोकसेवा आयोगाच्या मता प्रमाणें निवड करपाच्या पांवड्यार जरी ह्या समुदायांतल्या उमेदवारांचो आंकडो आरक्षीत केल्लीं पदां भरपाक आवश्यक अणभवान पर्याप्त नासल्यार, गोंय लोकसेवा आयोग आपल्या स्वेच्छाधिकारान पात्रताय सदळ करूं शकता.**

## VI समाज कल्याण संचालनालय

**7. सहाय्यक संचालक (दिव्यांग कल्याणा खातीर) Assistant Director) (Welfare of the Differently Abled) ...... 2 पदां**

वेतन श्रेणी : रू. 9,300-34,800+4,600/- (पूर्व-सुदारीत) (सुदारीत वेतन मॅट्रिक्स टप्पो **7** प्रमाणें) **पिराय-** 45 वर्सां परस उणी.

**शिक्षणीक आनी हेर पात्रताय:-**

**आवश्यक:** (i) मान्यताय प्राप्त विद्यापिठांतल्यान वा तत्समांतल्यान समाज सेवा वा समाज कल्याण वा समाज कार्य वा समाजशास्त्र वा मानसशास्त्रांत मास्टर्स पदवी. (ii) खंयच्याय मान्यताय प्राप्त सरकारी समाज कल्याण संस्थेंतल्यान समाज कार्यांत 5 वर्सांचो अणभव. (iii) कोंकणीचें गिन्यान आसूंक जाय.

**टीप: कोंकणीचें गिन्यान आशिल्ले योग्य उमेदवार उपलब्ध नासल्यार, ही अट सदळ करूंक शकता.**

**ऐच्छिक –** मराठीचें गिन्यान.

**टीप 1 : बरी पात्रताय आशिल्ले उमेदवार आसल्यार, गोंय लोकसेवा आयोग आपल्या स्वेच्छाधिकारान पात्रताय सदळ करतले.**

## VII. पशूपालन आनी पशुचिकित्सा सेवा संचालनालय

**8. पशुचिकित्सा अधिकारी (Veterinary Officer) 34 पदां [1 पद अनुसुचीत जाती खातीर, 6 पदां अनुसुचीत जमाती खातीर, 13 पदां हेर मागास वर्गीयां खातीर आनी 1 पद शारिरीक रित्या दिव्यांगा खातीर आरक्षीत (एक पांय/आयकुपाची दिव्यांगताय)]**

**वेतन श्रेणी**: रू. 9,300 -34,800+4,600/- (पूर्व-सुदारीत) (सुदारीत वेतन मॅट्रिक्स टप्पो **7** प्रमाणें) **पिराय-** 45 वर्सां परस उणी.

**शिक्षणीक आनी हेर पात्रताय:-**

**आवश्यक:** (i)भारतीय पशुचिकित्सा परिशद कायदो, 1984 (1984 चो केंद्रीय कायदो 52) च्या पयल्या वा दुसऱ्या परिशिश्टांत आस्पावीत केल्ले प्रमाणें मान्यताय प्राप्त पशूपालन पात्रताय तशेंच गोंय राज्य पशुचिकित्सा परिशदेक नोंदणीकृत केल्ली आसूंक जाय.

**टीप: कोंकणीचें गिन्यान आशिल्ले योग्य उमेदवार उपलब्ध नासल्यार, ही आवश्यकता सदळ करूंक शकता.**

**ऐच्छिक –** (i) गोरवां विकास वा कुकूडपालन विकास वा पशुचिकित्सालय चलोवपाचो अणभव आसूंक जाय. (ii) मराठीचें गिन्यान.

## VIII. कार्मीक खातें

**9. गोंय नागरी सेवेंत कनिश्ठ श्रेणी अधिकारी (Junior Scale Officer of Goa Civil Service) ..... 22 पदां [15 अनारक्षीत ना, 1 अनुसुचीत जाती खातीर, 5 हेर मागास वर्गियां खातीर आनी 1 शारिरीक दिव्यांगा खातीर आरक्षीत (एचएच]**

**वेतन श्रेणी**: सुदारीत वेतन मॅट्रिक्स टप्पो 10 प्रमाणें. **पिराय-** 40 वर्सां परस उणी*.

***पिराय:** अर्ज स्विकारपाच्या निमण्या दिसा तो/ती 40 वर्सां परस उण्या पिरायेचो/उणी पिरायेची आसूंक जाय:

सरकार वेळोवेळ खासा आदेशांतल्यान अधिसुचोवणी जारी करून सरकारी कर्मचारी वा हेर गटांतल्या व्यक्तीच्या पिरायेची ही कमाल मर्यादा सदळ करूंक शकता, पूण उमेदवाराची पिराय 50 वर्सां परस उणी आसूंक जाय.

**शिक्षणीक आनी हेर पात्रताय:**

**आवश्यक- (i)** शिक्षणीक पात्रताय : संसदेच्या कायद्यान वा भारताच्या खंयच्याय विधिमंडळान स्थापन केल्ल्या विद्यापिठाची वा संसदेच्या कायद्यान स्थापन केल्ल्या हेर शिक्षणीक संस्थांची वा विद्यापीठ अनुदान आयोग कायदो, 1956 (1956 चो केंद्रीय कायदो 3) हाच्या 3 कलमा खाला जाहीर केल्ल्या मानद विद्यापिठाची वा केंद्र सरकारान वेळोवेळ मान्यताय दिल्ल्या विदेशी

विद्यापिठाची, ताचे/तिचे कडेन पदवी आसूंक जाय, वा परिक्षेक प्रवेश घेवपा खातीर राज्य/केंद्र सरकाराची मान्यताय प्राप्त पात्रताय आसूंक जाय. (ii) कोंकणीचें गिन्यान आसूंक जाय.

**ऐच्छिक –** मराठीचें गिन्यान.

**<u>गोंय नागरी सेवेंत कनिश्ठ श्रेणी अधिकारी पदां खातीर सुचोवण्यो</u>**

1. हे जायरातीक प्रतिसाद दिवपी सगळ्या पात्र उमेदवारांक, लघुवळेरी तयार करपाक लागपी चांचणी परिक्षेंत प्रवेश दितले, ही परिक्षा आयोगान थारयल्ले पध्दतीन आयोग घेतले. चांचणी परिक्षेंत पास जावंक उण्यांत उणे गूण सकयल दिल्ल्या प्रमाणें आसात:

| | |
|---|---|
| अनारक्षीत वर्गांतल्या उमेदवारांक | - 65% |
| हेर मागास वर्गीय/शारिरीक दिव्यांगता आशिल्ल्या उमेदवारांक | - 60% |
| अनुसुचीत जातींतल्या वर्गांतल्या उमेदवाराक | - 55% |

**चांचणी परिक्षेंत संबंदीत गटांत वयर दिल्ली उण्यांत उणी टक्केवारी मेळोवन पास जावपी उमेदवारांक स्पर्धात्मक लेखी परिक्षा दिवंक आपयतले. चांचणी परिक्षेचो अभ्यासक्रम आयोगाच्या संकेतथळाचेर आदींच अपलोड केल्लो आसा.**

2. चांचणी परिक्षेच्या निकालाच्या आदाराचेर आयोग थारयता त्याच उमेदवारांक स्पर्धात्मक लेखी परिक्षा दिवंक मेळटली, जी सकयल दिल्ल्या तपशिला प्रमाणें 250 गुणांची आसतली:

| | | |
|---|---|---|
| **पेपर – I** भाग अ- सामान्य बुध्दिमत्ता, तर्क आनी सांख्यिकी अभियोग्यताय | 50 गूण | – 60 मिण्टां |
| भाग ब – मूलभूत भारतीय संविधान, शासन आनी प्रशासन | 75 गूण | – 120 मिण्टां |
| भाग क – सामान्य गिन्यान आनी चालू घडामोडी | 75 गूण | – 120 मिण्टां |
| **पेपर – II** भाग ड – इंग्लीश आकलन | 50 गूण | – 90 मिण्टां |

3. स्पर्धात्मक लेखी परिक्षे खातीरचो अभ्यासक्रम तारीख 03.10.2013 च्या सिरीज I, क्र. 27 च्या राजपत्रांत प्रकाशीत केला आनी www.goaprintingpress.gov.in ह्या संकेतथळाचेर पळोवंक मेळटा. तो आयोगाच्या संकेतथळाचेरूय पळोवंक मेळटा.

4. स्पर्धात्मक लेखी परिक्षे खातीर उण्यांत उणी पास जावपाची टक्केवारी सकयल दिल्ल्या प्रमाणें आसा.
   - अनारक्षीत वर्गा खातीर एकूण गुणांतले, 65 टक्के गूण मेळूंक जाय,
   - हेर मागास वर्गीय, दिव्यांग लोकां खातीर एकूण गुणांतले, उण्यांत उणे 60 टक्के मेळूंक जाय.
   - अनुसुचीत जातींतल्या उमेदवारां खातीर पास जावपाची टक्केवारी एकूण गुणांतले, उण्यांत उणे 55 टक्के मेळूंक जाय.
5. तोंडी मुलाखती खातीर फकत स्पर्धात्मक लेखी परिक्षेचे गुणवत्ता आदाराचेर आनी आरक्षण धोरण मतींत दवरून जायरातीचेर दिल्ल्या पदांच्या आंकड्यांच्या पांच पटीन चड उमेदवारांक आयोग आपयतले. जरी निमाण्या उमेदवाराक मेळ्ळया तितलेच गूण मेळोवपी आनीक उमेदवार आसल्यार, त्या सगळया उमेदवारांक तोंडी मुलाखती खातीर आपयतले.
6. स्पर्धात्मक लेखी परिक्षे खातीर 250 आनी तोंडी मुलाखती खातीर 40 गूण आसतले.
7. तोंडी परिक्षे खातीर आपयल्ल्या सगळया उमेदवारांक सकयल दिल्ल्या 8 व्या अनुक्रमांका प्रमाणें निमाणे निवडी खातीर पात्र थारूंक तोंडी परिक्षेंत उण्यांत उणें 50 टक्के गूण मेळोवंक जाय, जे सकयल दिल्ल्या प्रमाणें उण्यांत उणे निमाण्या एकूण गुणा इतले (स्पर्धात्मक लेखी परिक्षा आनी तोंडी परिक्षा) मेळोवंक जाय:

| | |
|---|---|
| अनारक्षीत वर्गांतल्या उमेदवारांक | - 65% |
| हेर मागास वर्गीय/शारिरीक दिव्यांगता आशिल्ल्या उमेदवारांक | - 60% |
| अनुसुचीत जातींतल्या उमेदवारांक | - 55% |

***सकयल दिल्ली स्पश्टीकरणात्मक टीप पळोवची.**

8. स्पर्धात्मक लेखी परिक्षा आनी तोंडी परिक्षेचे गूण एकठांय करून गुणवत्ता आदाराचेर उमेदवारांची निमाणी निवड जातली.
9. परिक्षे खातीर उमेदवारांक सविस्तर सुचोवण्यां सयत व्यक्तीगत आपोवणें पत्र आनी हॉल तिकेटी ई-मेला वरवीं धाडटले. स्पर्धात्मक लेखी परिक्षा आनी चांचणी परिक्षेची तारीख थळाव्या दिसाळयांचेर छापतले तशेंच आयोगाच्या संकेतथळाचेर अपलोड करतले.
10. उमेदवारांची निवड लागू आशिल्ल्या संबंदीत नेमांक धरून आसतली.
11. जरी ऑनलायन अर्ज फॉर्म भरपा संदर्भांत कसलीय अडचण आयल्यार, उमेदवारांनी 24.01.2020 चे पयली आयोगाच्या कार्यालयांत तकनिकी अधिकाऱ्याक संपर्क करचो.

**स्पश्टीकरणात्मक टीप:**

देख 1. स्पर्धात्मक लेखी परिक्षेंत 167 गूण आनी तोंडी परिक्षेंत 24 गूण मेळोवपी उमेदवार (अनारक्षीत वर्गांत) गुणवत्ता वळेरींत आसपावीत करूंक पात्र थारतलो कारण ताचे निमाणे एकठांय केल्ले गूण, ते म्हणल्यार 167 +24 = 191 गूण जातात जे निर्धारीत उण्यांत उणे 65 टक्के परस चड आसात.

देख 2. स्पर्धात्मक लेखी परिक्षेंत 162.5 गूण आनी तोंडी परिक्षेंत 20 गूण मेळोवपी उमेदवार (अनारक्षीत वर्गांत) गुणवत्ता वळेरींत आसपावीत करूंक पात्र थारचो ना कारण ताचे निमाणे एकठांय केल्ले गूण, ते म्हणल्यार 162.5 +20 = 182 गूण जातात जे निर्धारीत उण्यांत उणे 65 टक्के परस उणे आसा.

देख 3. स्पर्धात्मक लेखी परिक्षेंत 189.5 गूण आनी तोंडी परिक्षेंत 19 गूण मेळोवपी उमेदवार (अनारक्षीत वर्गांत) गुणवत्ता वळेरींत आसपावीत करूंक पात्र थारचो ना कारण तोंडी परिक्षेंत ताका 50 टक्के परस उणे गूण मेळ्ळयात.